## राज्यपालांची  दक्षीण गोंयांत ‘खुशाल कल्याण यात्रा’

ता. 28 मे 2025

गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी आपल्या खुशाल कल्याण यात्रेच्या तिसऱ्या फेरीत आयज दक्षीण गोंयांतल्या पाच धार्मिक थळांक भेट दिली. राज्यपालान सकाळी बाळ्ळीच्या श्री शांतादुर्गा बाळ्ळीकरीण देवस्थानाक भेट दिवन आपल्या यात्रेक सुरवात केली. ह्या वेळार विरोधी फुडारी श्री. युरी आलेमाव आनी आमदार श्री. एल्टन डिकॉस्ता हांणी राज्यपालाक येवकार दिलो. राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई आनी गोंयच्यो प्रथम महिला श्रीमती रिता श्रीधरन पिल्लई हांणी श्री शांतादुर्गा बाळ्ळीकरीण देवस्थानात प्रार्थना केली.

ह्या वेळार श्री शांतादुर्गा बाळ्ळीकरीण देवस्थान समिती वतीन शाल, श्रीफळ आनी यादस्तीक भेटोवन राज्यपालाचो सत्कार केलो. राज्यपालान देवस्थान समितीक 50,000/- रूपयांचो धनादेश  भेटयलो. देवस्थान समिती वतीन देवस्थानचे अध्यक्ष श्री. संकेत फळदेसाय हांणी राज्यपालाक येवकार दिलो. देवस्थानचे सचीव श्री. विजय फळदेसाय, खजीनदार श्री. मिथील फळदेसाय, एटर्नी श्री. विदेश फळदेसाय, समितीचे हेर वांगडी, सरपंच श्री. गोविंद फळदेसाय ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

उपरांत राज्यपालान  माशे लोलयेच्या श्री निराकार देवस्थानाक भेट दिली. गोंय विधानसभेचे सभापती श्री. रमेश तवडकर हांणी राज्यपालाक येवकार दिलो. सरपंच श्रीमती निशा च्यारी,  देवस्थानचे अध्यक्ष श्री. रामकृष्ण प्रभूगावकर, भुषण प्रभूगावकर, माधव प्रभूगावकर आनी हेर वांगडी उपस्थित आशिल्लें.

राज्यपालान  माशे लोलयेच्या माणो-शोभा कला घराकय भेट दिली. श्री. संदेश प्रभूदेसाय हांणी राज्यपालाक कला घराच्या कार्याविशी म्हायती करून दिली. कला घरांत सगळ्यां प्रकारच्या कलांचे सादरीकरण करपात येता, अशें सांगलें.

उपरांत राज्यपालान पैंगीण हांगाच्या  हुतात्मा स्मारक आनी  800 वर्सां पुरातन  श्री बेताळ देवस्थानाक भेट दिली. सभापती श्री. रमेश तवडकर, सरपंच श्रीमती सविता तवडकर, देवस्थानचे अध्यक्ष हरिष प्रभूगावकर आनी हेर सदस्य ह्या वेळार उपस्थित आसिल्लें.

दनपारच्या सत्रात राज्यपालान कुंकळ्ळीच्या  झमातुल सुन्नी झामिया मशिदीक भेट दिली. विरोधी फुडारी श्री. युरी आलेमाव, कुंकळ्ळी नगरपालिकेचे नगराध्यक्ष एल. मास्कारेन्हस, मशिद समितीचे अध्यक्ष शाह शब्बीर, उपाध्यक्ष शेख अब्दुल रौफ, सचीव शेख सुलेमान आनी हेरवांगड्यांनी राज्यपालाक येवकार दिलो.  मशिद समितीवतीन शाल आनी यादस्तीक भेटोवन राज्यपालाचो सत्कार केलो.

उपरांत  राज्यपालान कुंकळ्ळी  हांगाच्या अवर लेडी ऑफ हेल्थ चर्चीक भेट दिली. राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई आनी गोंयच्यो प्रथम महिला श्रीमती रिता श्रीधरन पिल्लई हांणी चर्चींत प्रार्थना केली.

राज्यपाल आपल्या खुशाल कल्याण यात्रेत  धार्मिक थळांक  भेट दिवन गोंय आनी देशातल्या लोकांमदी शांतिकाय, खुशालकाय आनी  कल्याणा खातीर प्रार्थना करतात. राज्यपालाचे सचीव संजीव गावस देसाय, विशेश अधिकारी मिहिर वर्धन, इतिहासकार संजीव सरदेसाय आनी राज्यपालाच्या कार्यालयाचे अधिकारी ए. कल्याण हर्ष  खुशाल कल्याण यात्रे वेळार उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/    / विगां/ 2025/492

--

-------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.